**बर्ड फ्लू रोगाआड उपाय घेवपाखातीर नोडल अधिकाऱ्याची नेमणूक**

ता. 20 जानेवारी 2021

महाराष्ट्र राज्यासयत देशाच्या वेगळ्या वेगळ्या राज्यांनी बर्ड फ्लू रोगाचो प्रादुर्भाव वाडिल्ल्याच्या फाटभुंयेर गोंय सरकाराच्या जनावरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान बर्ड फ्लू रोगाआड उपाय घेवपाखातीर आनी लोकांक आवश्यक म्हायती दिवपा खातीर नोडल अधिकाऱ्याची नेमणूक केल्या. लोकांनी कोंबयो आनी रानटी सुकण्यांक कसल्याय रोगाची लक्षणां दिसल्यार वा मरपाक लागल्यार पालवी संचालक, रोग तपास विभाग, टोंक करंजाळे, गोंय ( फोन नं. 9607918115/9860226570/0832-2462919 ), ई-मेल- diuvetgoa@gmail.com. संपर्क करचो.

तशेंच लोकांनी चिकन आनी तातयां खातना खबरदारी घेवपाचो सल्लो जनावरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान दिला. लोकांनी चिकन आनी तातयां 30 मिनटांमेरेन 70 अंश तापमानात शिजोवप वा उकडपाक जाय. योग्य तरेन उकडलेले चिकन वा तातयां खावपाक सुरक्षीत आसा. तशेंच चिकन कातरपाच्या जाग्यार नितळसाण राखपाचीय गरज आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/86

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity